Panaji National 29th March 2026 6.30pm

PM

अस्तंत आशियांतली परिस्थितीक लागून आव्हानात्मक काळ निर्माण जाला  कारण हो वाठार भारताच्या ऊर्जेच्या गरजांखातीर एक मुखेल केंद्र आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. ते आकाशवाणी वेल्या मन कि बात कार्यवळींत उलयताले.

वावड्यांक बळी पडचे न्हय आनी सरकारान दिल्ले म्हायतीचेर विस्वास दवरचो असो उलो तांणी लोकांक मारला.

प्रधानमंत्री मोदी हांणी भारताच्या गिरेस्त सांस्कृतीक दायजाचें जनभागीदारीतल्यान दस्तावेजीकरण करपाचो हेतू आशिल्ल्या ज्ञान भारतम् सर्वेक्षणाचेर भर दिलो.

राष्ट्रनिर्माणाची जापसालदारकी पुराय करपाक 'MY Bharat' हाची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें प्रधानमंत्र्यान सांगलें.

प्रधानमंत्री उदका संवर्धनाचेर उलयलें. देशाच्या जायत्या वाठारांनी गिमाची सुरवात जाल्ल्यान उदक वाचोवपाच्या संकल्पाचो पुनरुच्चार करपाची वेळ आयल्या अशें तांणी म्हळें.

टी-20 विश्वचषक सर्तींत भारताचे जैत आनी जम्मू-काश्मीरान पयलेच खेपे रणजी ट्रॉफी जिखिल्ल्याचो उल्लेख करत हाली भारतान खेळां मळार मेळयल्ल्या यशाची तोखणाय प्रधानमंत्री मोदी हांणी केली.

Gulf

इराणान युएई, कुवेत आनी बहरीन हांचेर क्षेपणास्त्र आनी ड्रोन हल्लो चालू दवरिल्ल्यान आखाती वाठारांतली संरक्षण दळां high alert चेर आसा. इराणाच्या दोन मुखेल steel कारखान्यांचेर अमेरिका आनी इझ्राएलान केल्ल्या हल्ल्यांच्या प्रत्युत्तरात हे हल्ले करतात.

Israel

इराणाची राजधानी तेहरानांत लश्करी मुळाव्या साधनसुविधांक लक्ष्य करून इझ्राएलान व्हड प्रमाणांत हल्ले केल्यात. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत इझ्राएल संरक्षण दळान ह्या हल्ल्यांत इराणाच्या शस्त्रां साठवणूक आनी उत्पादन केंद्रांक लक्ष्य केल्ल्याचें सांगलां. तसेच, तात्पुरती कमांड आनी बॅलिस्टीक क्षेपणास्त्र केंद्रां, हवाई संरक्षण प्रणाली आनी पाळत दवरपाच्या केंद्रांचेरूय हल्ले जाले.

IMD

भारतीय हवामान खात्यान जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, आनी अस्तंत राजस्थानांत आयज कऱ्यांच्या पावस वांगडा गडगड मारपाचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला.

IPL

आयपीएल 2026 च्या दुसऱ्या मॅचींत आज मुंबयतल्या वानखेडे स्टेडियमांत मुंबय इंडियन्स कोलकाता नाइट रायडर्स आड खेळटलो. मॅच सांजवेळार 7:30 वरांचेर सुरू जातली.